प्रादेशिक खबरो २४.०१.२०२६ @ ७.२५

rashmi

गोंयांक global wellness destination करपाची मोख राज्य सरकारान दवरला, हया दिखेन सरकारी पावंड्यावेल्यान काम लेगीत सुरु जाला अशी म्हायती मुखेलंमत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी दिल्या. ते पयल्या india international ayurveda and wellness expo and summit 2026 च्या उक्तावण सुवाळ्यावेळार मुखेल सोयरे म्हण उलयताले. हो एक्स्पो आता दर वर्सा गोंय सरकार आयोजित करतले अशी घोशणा ह्यावेळार मुखेलमंत्र्यान केली. मुखेलमंत्र्याच्या हस्तुकी गोवा आर्युवेदा धोरण २०२६ चे अनावरण जाले. ह्यावेळार माचेंर पतंजली आर्युवेदाचे वेवस्थापकीय संचालक आचार्य बाळकृश्ण, राज्याचे मुखेल सचिव वी. कान्दावेलु, राज्यसभेचे खासदार सदानंद शेट तानावडे, all india institute of Ayurvedaचे मुखेली पी. के प्रजापती, तशेंच राजेंद्र बर्वे हाजीर आशिल्ले.

गोंय हे पर्यटन थंळ म्हण संसारीक पावड्याचेंर फामाद आसा. हांगा येताता ते पर्यटक दोन ते तीन दिस गोंयात रावतात. मात केरळ सारख्या आर्युवदाचो प्रचार करपी राज्यात पर्यटक १७-१८ दिस रावतात. सैमान नटील्ले गोंय लेगीत हे करपाक शकता, गोंयात आर्युवेदा वेलनेस केंद्रा उबारल्यार भलायकी घटमुट करपी राज्य म्हण गोंयाक वेलने टुरीझमाच्या नदरेतल्यान एक आगळी वेगळी ओळक मेळटली अशे आचार्य बालकृष्ण हांणी म्हणला. देसातल्या हेर राज्याच्या तुळेत गोंयात केन्सराचे प्रमाण उणे आसा ही बरी बाब , मात गोडे मुताचे प्रमाण चड आसा. ह्या दुयेसाक पयस करपाक आर्युवेद महत्वाची रामबाण उपाय थारुंक शकतली. भारतीयांनी योग पद्दती आपणावन , योग पद्दती ही भारताची कशी ती दाखोवन दिवपाची गरज आसा अशे आचार्य बाळकृश्ण हांणी म्हणले.

नामनेचे दोतोर राजेद्र बर्वे हांणी ह्यावेळार भारतात दर एक लाख मनशातल्या ९० जणांक केन्सराचे दुयेस आसा अशे म्हणले जाल्यार अमेरिकेत हे प्रमाण एका लाखातले ३७० जणांक केन्सराचे दुयेस जाता अशी म्हायती दिली.

Rashmi

गोंय राज्य शिक्षणीक संशोधन आनी प्रशिक्षण मंडळ उच्च शिक्षण संचालनालय, आनी इन्फोसिस स्प्रिंगबोर्ड हांच्या सहकार भागीदारी खाला लॅब ऑन व्हील्स चालीक लावपाच्या फांटभुयेर मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांच्या हजेरीत कुजिरा संकुलात कबलात जाली.विद्यार्थ्यांक आधुनीक डिजिटल शिक्षण, कुशळटाय विकास, आनी फुडाराक तयार आशिल्ल्या संदिचेर हाताळणी मेळोवपाचो हेतान हे शिक्षण महत्वाचे थारतले अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हळा.

Rashmi

नेताजी सुभाश चंद्र बोस हांच्या जयंतीच्या फांटभुयेर पणजे काग्रेस हावसात नेताजी सुभाश चंद्र बोस हांका आर्गा दीवपाक कार्यावळ आयोजीत केल्ली.ह्यावेळार का ॅग्रूसचे कार्यकर्ते तशेंच सेवा दलाचे कार्यकर्ते हाजीर आशील्ले. नेताजी हे एक म्हान फुडारी आशील्ले अशे ह्यावेळार गोंय बायला का ॅग्रेसची अध्यक्ष प्रतिक्षा खलप हाणी म्हणले .

प्रसाद

नॅशनल फॉरेंसिक सायन्सेस युनिव्हर्सिटी गोवा कॅम्पसन आयकर विभागाच्या विविध कार्यालयांतल्या आयकर अधिकारयाखातीर "डिजिटल फॉरेन्सिक्स प्रशिक्षण कार्यक्रम" यशस्वीपणान पुराय केला. जुलय २०२५ सावन सुरू जाल्ल्या ह्या ५-दिसांच्या प्रशिक्षण कार्यक्रमांत अधिकाऱ्याक डिजिटल फॉरेन्सिक्स प्रशिक्षणदिले .
नॅशनल फॉरेंसिक सायन्सेस युनिव्हर्सिटी गोवा कॅम्पसान २०२५-२६ ह्या आर्थिक वर्सा DGIT विभागांतल्या ३१३ अधिकारींचें प्रशिक्षण दीलां.

Imd

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत तापमान 33.4डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर किमान डिग्री सेल्सिअस 18.4 नोंद जाला.

Sports

देवाबाग हांगा जाल्ल्या  काणकोण तालुकास्तरीय आंतरशालेय ॲथलेटिक्स स्पर्धेत आमोणे, पैंगीणच्या बलराम निवासी विद्यालयान  सगळया पिरायेच्या गटांत  उत्कृष्ट कामगिरी करत वस्तादपण जोडले